**आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंयच्या कलाकारांचे सांस्कृतीक कार्यक्रम पळोवपाक लोकांची गर्दी**

22 नोव्हेंबर 2023

नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर चालू आशिल्ल्या 42 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यातल्या गोंयच्या पॅव्हेलियनात दिनेश प्रियोळकर हांच्या फुडारपणाखाला प्रियोळच्या कला संगम पंगडाच्या कलाकारांकडल्यान सादर करपात येवपी सांस्कृतीक कार्यक्रम पळोवपाक दिल्ली आनी हेर राज्यांतल्या लोकांची सदाच गर्दी आसता. गोंयच्या कलाकारांकडल्यान सादर करपात येवपी दिवली नाच, धनगर नाच, विरभद्र, घोडेमोडणी, जागोर, देखणी आनी कुणबी नाचाक लोकांचो भरपूर प्रतिसाद मेळटा. गर्दी आसता. तांच्या सादरीकरणातल्यान गोंयची कला आनी संस्कृती राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार पावोवपाक मजत जाता.

तशेंच पॅव्हेलियनाक भेट दिवपी लोकांक गोंयची प्रगती, पर्यटन, उद्देग आनी हेर मळार उपलब्ध आशिल्ल्यो साधनसुविधां, धोरणां, कल्याणकारी येवजणो आनी उपक्रमांची म्हायती दितात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/903

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.